11 May 2026 7.20PM

- कोर्टीतीर्थ कोरीडोराचे काम बेगीनुच दीवाडे जुव्यार सुरु जातले अशी घोशणा मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी पेत्रोल आनी भांगरावीशी दील्लो संदेश स्पश्ट आसा, देखून नागरिकांनी ही गझाल लक्षांत घेवन तांच्या मार्गदर्शानाक पाळो दिवचो पडटलो अशी प्रतीक्रीया मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी दील्या.

- काल कांय पंचायत प्रभागा खातीर जाल्ले पोट वेचणूकेचे मतदाना उपरांत आयज मेतमेजणी जावन निकाल जाहीर जाल्यात.

- अंदू वर्सा हज यात्रेक गोंयांतल्यान 145 यात्री वचपाचे आसात. तातूंतलो पयलो ९० जाणांचाे पंगड फाल्यां मुंबय वचपाक भायर सरतलो.

- राज्यांतल्या सगल्या कामगार कंत्राटदारांक आनी बांदकाम आस्थापनांक ‘गोवा इमारत आनी हेर बांदकाम कामगार कल्याण मंडळाकडेन बेगोबेग नोंदणी करची अशी सुचोवणी कामगार आनी रोजगार आयुक्तालयान जारी केल्या.

**Kotitirth (183)**

कोर्टीतीर्थ कोरीडोराचे काम बेगीनुच दीवाडे जुव्यार सुरु जातले अशी घोशणा मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला. गोंयही देवभुमी जांवन आसा. हांगचे टेम्पल टुरीझम सध्या संसारीक पावंड्याचेंर नामना जोडपाक लागला . पोर्तुगीजांनी तांच्या राजवटीच्य काळात गोंयातली सुमार 1 हजार देवळा उध्वस्त केल्ली अशे हयावेळार मुकेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांम म्हणला. ते-पोरण्या गोंया बांयगिणी हांगा श्री गोवेश्वर महाशिव मंदिर हांगा आयोजित सोमनाथ स्वाभिमान पर्व २०२६ हया कार्यावळीत उलयताले.

देशाचे त्येळचेगृहमंत्री सरदार वल्लभभाई पटेल हांच्या फुडारपणाखाल गुजरात सोमनाथ देवूळ परतून बांदलें आनी तें तेन्नाचे अध्यक्ष डॉ राजेंद्र प्रसाद हांणी उक्तावण केलें अशें मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. आयज हें देवूळ 75 वर्सां पुराय करता अशें तांणी नदरेक हाडलें आनी ताका अभिमानाची खीण म्हणलें. तांणी फुडें सांगलें की, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी हया वर्साक सोमनाथ पर्व वर्स म्हूण

जाहीर केलां, देशभरांत जायत्यो कार्यावळी आयोजीत केल्यात. गोंयांत ही कार्यावळ तपोभूमि हांगा जातली अशें तांणी सांगलें.

ह्या कार्यावळीची सूरूवात सुरवेक केंद्रीय अक्षय उर्जा राज्य मंत्री हांच्या हस्तुकी श्री गोवेश्वर महाशिव मंदिर महादेव पिंडीचेर दुदांचो अभिशेक करून जालो.ही कार्यावळ गोंय कला आनु संस्कृती संचालनालयावतीन घडोवन हाडील्ली. ह्यावेळार पोरण्या गोंयचे आमदार राजेश फळदेसाय तशेंच नरेंद्रचार्य महाराज मठाचे वांगडी हाजीर आशील्ले.

**CM on PM- 90**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी पेत्रोल आनी भांगरावीशी दील्लो संदेश स्पश्ट आसा,चालू आशिल्ल्या झुजां मदीं भारतान पेट्रोलियम उत्पाद आनी भांगर सारकिल्या मुखेल आयातांचेर नियंत्रण दवरचें पडटलें, ह्या वस्तुंचो थेट परकी चलनाचेर परिणाम जाता ही बाब नागरीकांनी लक्षात घेवप महत्वाचे आसा. सगळ्यांनी हें मार्गदर्शन पाळचें पडटलें अशी प्रतीक्रीया मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी दील्या.

मध्यपूर्वेतल्या झुजाचे फाटभुंयेर पेत्रोल-डिझल दरवाडीची शक्यताय लक्षांत घेवन 'वर्क फ्रॉम होम' सुरू करात. इंधनाची बचत करात आनी परकी चलन वाटावपा खातीर वर्सभर भांगराची खरेदी टाळात,तशूंच फोरेन भोंवड्यो वचपाक टाळात अशें आवाहन प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी देशांतल्या नागरीकांक काल केल्ले.

**By Poll Panchayat- 87**

काल कांय पंचायत प्रभागा खातीर जाल्ले पोट वेचणूकेचे मतदाना उपरांत आयज मेतमेजणी जावन निकाल जाहीर जाल्यात. भाटी पंचायतीचे पोटवेंचणुकेंत आदली पंच वांगडी एस्पेरान्सा ब्रागांझा हांणी राजिनामो दिले उपरांत जाल्ले वेंचणूकेंत आनंद गोवेकार वेंचून आयलो. ह्या प्रभागात आनंद नाईक आनी सुजय नायक हांकां दरेकी ६० मतां पडिल्ल्यान लॉटरी पद्धतीन विजयी उमेदवाराची घोशणा जाली. दोंगुर्ली-ठाणे, पिसुर्ले आनी वेर्णा पंचायतीच्या प्रभागांत पोटवेचणुको जाल्यो. दोंगुर्ली-ठाणे पंचायतीच्या प्रभाग एकात विश्वनाथ परवार आनी पिसुर्ले पंचायतीच्या प्रभाग आठांत नवू खरवत हे विरोधा विणे वेंचून आयले. जाल्यार वेर्णा पंचायतीच्या प्रभाग एकांत आंतोनियो ब्रागांजा जैतिवंत थारले.

## Haj Yatra- 81

अंदू वर्सा हज यात्रेक गोंयांतल्यान 145 यात्री वचपाचे आसात. तातूंतलो पयलो ९० जाणांचा े पंगड फाल्यां मुंबय वचपाक भायर सरतलो.

आज मडगावां घेतिल्ले पत्रकार परिशदेत गोंय हज समितीचे अध्यक्ष उर्फान मुल्ला हांणी ही म्हायती दिली. फाल्या १२ मे दिसा दवर्ली हांगाच्या अंजुमन स्कूलाकडल्यान सांजवेळार 3.30 वरांचेर हे यात्री बसीन मुंबय वचपाक भायर सरतले. हे यात्री १३ मे दिसा मुंबयसावन सौदी अरेबिया वचपाक विमानात बसतले. ते उपरांत आनीक ५५ यात्री १६ मे दिसा ह्या यात्रेक वचपाक गोंयसावन भायर सरतले अशें मुल्ला हांणी सांगलें.

## Kamgar Kalyan- 112

राज्यांतल्या सगल्या कामगार कंत्राटदारांक आनी बांदकाम आस्थापनांक 'गोवा इमारत आनी हेर बांदकाम कामगार कल्याण मंडळाकडेन बेगोबेग नोंदणी करची अशी सुचोवणी कामगार आनी रोजगार आयुक्तालयान जारी केल्या. जायते कंत्राटदार आनी आस्थापनां कामगारांची नोंदणी करिनासतना कामाक लायतात, जाका लागून कल्याणकारी सेस फारीक करप टाळटात अशें गोंयचे कामगार आयुक्त राजेश आजगांवकार हांणी उजवाडाक दिल्ल्या परिपत्रकांत स्पश्ट केलां.

इमारत आनी हेर बांदकाम कामगार रोजगार नियमन आनी सेवा अटी कायद्याच्या कलम १२ प्रमाण दरेका कंत्राटदार, बिल्डर आनी रियल इस्टेट कंपनीक आपल्या पात्र बांदकाम कामगारांक मंडळा कडेन लावार्थी म्हूण नोंद करप कायदेशीर रितीन सक्तीचें आसा. सध्या नोंदणीचें प्रमाण सामकें उणें आसा, आनी ही प्रक्रिया पुराय जाल्यार कामगारांक वेगवेगळ्या सरकारी येवजण्यांचो थेट लाव मेळपाक सोंपें जातलें अशें आयुक्तान सांगलें.

## Goa Science Center- 134

गोवा सायन्स सेंटर वतीन16 ते 18 मे हया काळात वैयक्तीक छंद प्रदर्शनाचे आयोजन केला. संसारीक वसतुसंग्रहालय दिसाच्य फांटभुयेरं ह्या प्रदर्शमनाचे आयोजन केला. हे प्रदर्शन 16 ते 18 मे हय काळात सकाळी 9.30 ते सांजे 5.30 मेरेन आसतले.

वेगवेगळ्या वस्तुची आवड आसपी आनी तांका एकठाय करपाचो छंद आशिल्लया होबी कलेक्सटरांखातीर हे प्रदर्शन आसतले. नाणीं, शिक्के, प्राचीन वस्तू, जीवाश्म, कलाकृती, खेळणीं, विंटेज वस्तू, दुर्मिळ पुस्तकां, आनी हेर आकर्शक संग्रहीत वस्तू ह्या प्रदर्शनात वाटो घेवपी मानेस्त हांडुक शकता.

होबी कलेक्सटरांक एक माची दिवपाच्य हेतान हय प्रदर्शनाचे आयोजन केला. जाल्यार ह्या वस्तुविंशी उमळशीक आशिल्लया मनसांक त्यो वस्तु लागच्यान पळोवपाक मेळच्यो, तांची म्हायती मेळची हो हया प्रदर्शनाफाटलो मुखेल हेतु आसा. प्रदर्शन सगळ्यां खातीर उक्ते आसतले.इत्सूक भाग घेवप्यांनी आदींच नोंदणी करून तपशील सादर करपाची विनंती सायन्स सेन्टराच्या प्रसासनान केला. नोंदणी gscp.education@gmail.com ह्या ईमेलाचेर ईमेल धाडून करची अशे इत्सुकाक कळीत केला.

**GMC- 71**

गोंय वैजकी म्हाविद्यालय आनी गोंय दंत म्हाविद्यालयांत अभ्यासक्रम घेवपी अर्थीक नदरेन दुबळे विभाग (ईडब्ल्यूएस) वर्गांतल्या विद्यार्थ्यांक, अनुसूचित जाती/जनजाति विद्यार्थ्यांक मेळपी फी शुल्क सवलतीच्या फायद्यांचो विस्तार करपाचो निर्णय गोंय सरकारान मान्य सरकारान केला.

अर्थीक नदरेन दुबळी फाटभूंय आशिल्ल्या पात्र विद्यार्थ्यांक अर्थीक अडचणी बगर तांची शिक्षणीक आकांक्षा साध्य करपाक सशक्त करप, दर्जेदार वैजकी शिक्षणाची परवडपी आनी समावेशक प्रवेश सुनिश्चीत करपा खातीर आमच्या सरकाराची वचनबद्धताय हो निर्णय दाखयता अशे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

**My Bharat Portal- 126**

तरनाटे वेव्हार आनी खेळां मंत्रालयान ‘माय भारत’ पोर्टलाचेर राष्ट्रीय अवयव प्रत्यारोपण संघटणेच्या सहकार्यान देशांतल्या तरणाट्यां खातीर ‘राष्ट्रीय अवयव दान जागृताय प्रस्नमाची सर्त’ घडोवन हाडल्या. तरणाट्यांमदीं अवयवदानाविशींचे गैरसमज पयस करप, तांचें गिन्यान वाडोवप आनी ह्या जिवीत दिवपी वावराची समाजांत

जागृताय निर्माण करप हो ह्या उपक्रमाचो मुखेल हेत आसा. ह्या सर्तींत वांटो घेवपी तरणाट्यांक १० मिनटांनी २० प्रस्नांची जाप दिवची पडटली. सगल्या तरणाट्यां खातीर ही सर्त पुरायपणान फुकट आसा. येसस्वी सर्तकांक डिजिटल प्रमाणपत्र दितले, आनी राष्ट्रीय पांवड्यार पयल्या पांच सर्तकांक खाशेली प्रमाणपत्रा दितले. "एक अवयव दात्यान जायत्या जाणांचे जिवीत वाचवंक येता" हो संदेश भौसा मेरेन पावोवपा खातीर आनी ह्या जिवीत वाचवपी चळवळीचो भाग जावपा खातीर 'माय भारत' पंगडान आनी युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्रालयान mybharat.gov.in ह्या संकेतथळाक भेट दिवन चडान चड तरणाट्यांक हे सर्तींत वांटो घेवपाचें आवाहन केलां.

**Sports: 61**

गोंय क्रिकेट संघठणेन घडोवन हाडिल्ले टि_20 क्रिकेट सर्तींत चौगुले स्पोर्टस क्लबान जिनो स्पोर्टस क्लबाचेर जैत जोडीत सर्तीचें वस्तादपण जोडलें. निमणे खेळांत चौगुले पंगडान पयली बेटींग करीत 20 ओवरीनी 191 धावंड्यो काडल्यो जाल्यार तांकां जाप दितना जिनो पंगडानय 20 ओवरीनी 191 धावंड्यो काढून खेळ बादाबाद केलो. सर्तीचो वस्ताद थारावपा खातीर घाल्ल्या सुपर ओव्हरींत चौगुले क्लबान जिनो पंगडाचेर जैत मेळयत सर्तीचें वस्तादपण जोडलें.

**Weather: 37**

आयज वेधशाळेन नोंद केलां ते प्रमाण पणजेंत चडांत चड ३६ अंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यांत उणे २९ अंश सेल्सिअस तापमान नोंद जालां. मुरगांवांत चडांत चड तापमान ३५.६ अंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यांत उणे २८.६ अंश सेल्सिअस तापमान नोंद जालां.

**Announcement ( 82)**

आकाशवाणी पणजी केंद्राचा खबरा विभागा वरवी ‘वृत्तनिवेदकाच्या’ पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. अर्ज करपाक निमणी तारीख 17 मे २०२६ आसा . ह्या पदाखातीर कोंकणी भाशेचें गिन्यान आसचें. इत्सूक उमेदवारांनी आपलो अर्ज ‘हेड ऑफ आर एन यू, आकाशवाणी पणजी, आल्तिन्हो, पणजी , गोवा हांगा सादर करचो.